**<u>मतदार याद्यांचो मसुदो दावे आनी आक्षेप नोंद करपा खातीर उपलब्ध</u>**

ता. 27 ऑक्टोबर 2023

केंद्रीय वेंचणूक आयोगाच्या कार्यक्रमा प्रमाण 1 जानेवारी 2024 ही पात्र तारीख धरून मतदार वळेरी विशेंश उजळणी मोहिमे वरवीं गोंय राज्यांतल्या लोकसभा आनी विधानसभा मतदारसंघा संबंदीत तयार केल्लो मतदार वळेरींचो एकत्रीत मसुदो 27 ऑक्टोबर 2023 दिसा प्रसिध्द केला. मतदार वळेरींविशीचे दावे आनी आक्षेप 27 ऑक्टोबर ते 9 डिसेंबर 2023 मेरेन स्विकारतले. तशेंच 4, 5, 25 आनी 26 नोव्हेंबर 2023 दिसा विशेंश मोहिम आयोजीत करपात येतली. 26 डिसेंबर 2023 दिसा दावे निकालात काडटले आनी 5 जानेवारी 2024 दिसा अंतीम मतदार वळेरी प्रसिध्द करतले.

राजकीय पक्ष आनी लोकांखातीर मतदार वळेरींचो मसुदो संबंदीत लोकसभा आनी विधानसभा मतदारसंघ मतदान केंद्र, संबंदीत निर्वाचन अधिकारी आनी मामलेदार/जोड मामलेदार/सहाय्यक निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कचेरीत उपलब्ध आसा. मतदारांनी मतदार वळेरीची तपासणी करून आपले नांव मतदार वळेरींत आशिल्ल्याची खात्री करून घेवची तशेंच 1 जानेवारी 2024 ह्या तारखेक पिरायेची 18 वर्सां पुर्ण करप्यांनी आपले नाव मतदार वळेरींत आस्पाव करून घेवचे.

निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कचेरीवतीन बुथ पांवड्यार अधिकाऱ्याची (बीएलओ) नेमणूक केल्ली आसा. तशेंच helpline Mobile App आनी https//voters.ecigov.in/ ऑनलायन ई-सेवा उपलब्ध आसा. मतदारांनी दुरूस्ती, नवीन नोंदणी आनी मतदार वळखपत्रात बदल करून घेवपा खातीर ह्या सेवेचो लाव घेवचो.

मतदार वळेरींविशीं दावे आनी आक्षेप आसल्यार www.ceogoa.nic.in ह्या वेबसायटी वयल्यान 9 डिसेंबर 2023 मेरेन मुख्य निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कचेरीक धाडचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/844

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.